# नागरिकांनी हर घर तिरंगा मोहिमेत सहभागी जावचे

ता. 7 ऑगस्ट 2025

भारतीय नागरिकांमदी एकजूट, देशभक्ती आनी राष्ट्राभिमानाची भावना वाडोवपा खातीर भारत सरकारान तीन टप्प्यांनी "हर घर तिरंगा" मोहिम आयोजीत केल्या. ह्या मोहिमेतल्यान दर एक भारतीय कुटुंबाक अभिमानान राष्ट्रीय तिरंगो हुबोवपाक प्रोत्साहन मेळटले.

"हर घर तिरंगा" मोहिमेच्या पयल्या टप्प्याक 2 ऑगस्टाक सुरवात जाल्या आनी 8 ऑगस्ट मेरेन चलतलो. दुसरो टप्पो 9 ते 15 ऑगस्ट आनी तिसरो टप्पो 13 ते 15 ऑगस्ट मेरेन चलतलो. राष्ट्रीय अंमलबजावणी समितीन सगळीं राज्यां आनी संघप्रदेशांक "हर घर तिरंगा" मोहिम आयोजीत करून विविध कार्यावळीं आयोजीत करपाक सांगला.

आझादी का अमृत महोत्सवा निमतान "हर घर तिरंगा" मोहिमेक सुरवात जाल्ली. राष्ट्रीय तिरंगो बावटो आपल्या घरात हाडून तो हुबोवपाक लोकांक ह्या मोहिमे वरवीं प्रेरणा मेळटा, जेणे करून लोकांच्या काळजात देशभक्तीची भावना जागी जाता आनी राष्ट्रीय बावट्या विशीं आदर निर्माण जाता.

"हर घर तिरंगा" मोहिमेच्या काळात तिरंगा यात्रा/रॅली, तिरंगा कंन्सर्ट, तिरंगा मेळावे, तिरंगा मॅराथॉन अशां साबार कार्यक्रमांचे आयोजन करपात येता. तिरंगा सोपूत, तिरंगा सेल्फी आनी तिरंगा कॅनवास कार्यक्रम लेगीत ह्या मोहिमेचो भाग आसतलो.

फाटल्या दोन वर्सांत "हर घर तिरंगा" ही लोकांची मोहिम जाल्ली आसा. "हर घर तिरंगा" मोहिमेक लोकांचो भरपूर प्रतिसाद मेळटा. नागरिकांनी तिरंग्यासयत सेल्फी घेवन https://harghartiranga.com/selfie. ह्या वेबसायटीचेर अपलोड करची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/677

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.